# गोंयांत स्थलांतरीत कामगांर विभागाची स्थापणूक करपाची मुख्यमंत्र्यांची घोशणा

ता. 12 जानेवारी 2021

गोंयांत येवपी स्थलांतरीत कामगारांच्या कल्याणाखातीर गोंय सरकारान राज्यांत स्थलांतरीत कामगांर विभागाची स्थापणूक करपाचो निर्णय घेतला. स्थलांतरीत कामगांर विभागावरवीं राज्यांत येवपी कामगारांची आकडेवारी आनी हेर म्हायतीची नोंद दवरपाक मदत जातली. अशा म्हायतीची नोंद दवरिल्ल्यान राज्यांतल्या गुन्यांवकारीचेय प्रमाण कमी जावपाक मदत जातली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल सचिवालयांत तांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ल्या बसकेत उलयताना सांगले.

राज्यांत स्थलांतरीतांची संख्या लाखांनी आसा, पुण तांची म्हायती खंयच्याच यंत्रणेकडेन ना आनी त्या खातीर तांचे कल्याण, सुरक्षा आनी आवश्यक सुविधांबाबतीत अभाव दिसून येता. गोंयच्या अर्थवेवस्थेत तांचे म्हत्वाचे योगदान आसा, हे लक्षात घेवन खास करून कामगार, भलायकी, नुस्तेमारी आनी जिल्हाधिकारी कार्यालयांनी स्थलांतरीत कामगारांची नोंद दवरपा खातीर पावला उबारची, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

बसकेक नुस्तेमारी खात्याचे सचिव पी. एस. रेड्डी, भलायकी सचिव अमित सतीजा, आदिवासी कल्याण सचिव एस. के. भंडारी, गृह खात्याचे विशेश सचिव डॉ. तारिक थॉमस, डीजीपी मुकेशकुमार मिना, कामगार आयुक्त आनी हेर खात्यांचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

डॉ. अंजली बोर्डे हांणी भारत सरकाराच्या आदिवासी वेव्हार मंत्रालयांन स्थलांतरीत विभागाविशीं तयार केल्ल्या तपशीलाची म्हायती दिली. गोंयांत हेर राज्यांपरस कामगारांक चड पगार मेळटा आनी त्या खातीर खास करून झारखंड, ओडिशा, कर्नाटक, बिहार, उत्तर प्रदेश, बंगाल, छत्तीसगड, मध्यप्रदेश, उत्तर पुर्व महाराष्ट्र अशां राज्यांतल्या स्थलांतरीत कामगांर गोंयांत येतात. हे कामगांर चड करून सरबराय, बांदकाम, नुस्तेमारी वेवसाय आनी हेर क्षेत्रात काम करतात.

अशां कामगारांक खास करून सैमिक आपत्ती, साथीच्या रोगांचो प्रसार ह्या सारख्या प्रसंगार मदत दिवपाखातीर स्थलांतरीत कामगांर विभागामार्फत पावलां उबारप शक्य जातले. तशेंय तांच्या फायद्याखातीर हेर कल्याणकारी कार्यक्रम राबोवपाक मदत जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/47

——

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity